panaji national news on 20th March 2025 at 8.40 am

भीम 130

कमी खर्चाच्या भीम-यूपीआय वेव्हाराक चालना दिवपा खातीर सरकारान प्रोत्साहन येवजणेक मान्यताय दिल्या. ही येवजण अदमाशी 1500 कोटी रुपया खर्च करून चालीक लायतले. काल सांजवेळा नवी दिल्लींत केंद्रीय मंत्रीमंडळाच्या निर्णयां विशीं प्रसार मध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, की हे येवजणेक लागून ल्हान वेपाऱ्यांक कसलोच अतिरिक्त खर्च करिना सतना यूपीआय सेवांचो लाव घेवपाक मेळटलो.

आसामांतल्या नामरूप हांगाच्या ब्रह्मपुत्र व्हॅली फर्टिलायझर कॉर्पोरेशन लिमिटेडच्या सद्याच्या आवारांत नवो ब्राउनफील्ड अमोनिया-युरिया कॉम्प्लेक्स सारें प्लांट स्थापन करपाचो निर्णय घेतला अशें वैष्णव हांणी सांगलें. जवाहरलाल नेहरू बंदर प्राधिकरण ते महाराष्ट्रांतल्या चौक मेरेन स पदरी प्रवेश नियंत्रीत ग्रीनफील्ड म्हामार्ग बांदपाक अर्थीक वेव्हार मंत्रीमंडळ समितीन मान्यताय दिल्या अशें मंत्री वैष्णव हांणी फुडें सांगलें. हो प्रकल्प चार हजार ५०० कोटी रुपयांच्या एकूण भांडवली खर्चान बांधा, वापरा आणि हस्तांतरित करा (BOT) मोडाचेर विकसित करतले अशें तांणी सांगलें.

गडकरी 100

देशांतल्या वट्ट वीज पुरवणेतल्यान 42 टक्क्यां परस चड हरित उर्जेचो वांटो आसा अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां. काल नवी दिल्लींत जाल्ल्या 32व्या कन्व्हर्जन्स इंडिया एक्स्पो, स्मार्ट मोबिलिटी इंडिया एक्स्पो आनी 10व्या स्मार्ट सिटीज इंडिया 2025 त उलयताना गडकरी हांणी सरकार पर्यायी इंधन आनी जैव इंधनाक खाशेलें प्राधान्य दिता अशें स्पश्ट केलें.

प्रवास वेळ उणो करपाचो हेतू आशिल्ल्या वेगवेगळ्या मुळाव्या साधनसुविधा प्रकल्पांचेर भर दितना दिल्ली आनी देहरादून, दिल्ली आनी जयपूर तशेंच चेन्नई

आनी बेंगळुरू हांचे मदलें अंतर फकत दोन वरां मेरेन उणें करतले अशें मंत्र्यान जाहीर केलें. दिल्ली आनी मुंबय हांचे मदलो प्रवास वेळय बारा वरां मेरेन उणो जातलो अशें तांणी फुडें सांगलें.

मुर्मू 40

राष्ट्रपती भवनाच्या अमृत बागेंत आयज जावपी महोत्सवाक राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाजीर रावपाची  आसात. ही कार्यावळ सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयान घडोवन हाडल्या. उद्यम महोत्सव देशांतल्या  जीवित दायजाक नागरिकां लागीं हाडून एमएसएमईक सशक्त आनी उरबा  दिवपाचो यत्न करता. हो कार्यक्रम ह्या म्हयन्याच्या 30 तारखेक सोंपता.

रिजिजू 85

अल्पसंख्यांक समाजा सयत सगळ्या समाजांची समाजीक-आर्थीक स्थिती सुदारपा खातीर सरकार यत्न करता अशें केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलां. लोकसभेंत एका प्रश्नाक  लेखी जाप  दितना रिजिजू हांणी ह्या समाजांच्या शिक्षणीक सक्षमीकरणा खातीर सरकार मॅट्रिकपूर्व, मॅट्रिकोत्त आनी मेरिट-कम-मीन्स म्हळयार गुणवत्ता-सह-माध्यम आधारित शिष्यवृत्ती लागू करता अशी म्हायती दिली. तशेंच रोजगार आनी अर्थीक सशक्तीकरण सुनिश्चीत करपा खातीर प्रधानमंत्री विरासत का संवर्धन - पीएम विकास आनी राष्ट्रीय अल्पसंख्यांक उदरगत आनी वित्त म्हामंडळ (एन एम डी एफ सी) सारकिल्ल्यो येवजण्योय सवलतीच्या दरान रीण दिवपा खातीर चलयतात अशें तांणी सांगलें.

ट्रम्प 55

अमेरिकेचे राष्ट्राध्यक्ष डोनाल्ड ट्रम्प आनी तांचे  रशियन समपदस्थ व्लादिमीर पुतीन हांचे मदीं जाल्ले उलोवणींत युक्रेनचे अध्यक्ष वोलोदिमिर झेलेन्स्की हांणी रशिये आड जावपी झुजांत अंशतः झुजबंदी करपाक मान्यताय दिल्या अशें

अमेरिकेन सांगलां. राष्ट्राध्यक्ष ट्रम्प हांणी झेलेन्स्की हांकां पुतीन हांचे कडेन केल्ल्या संवादाची म्हायती फोनाचेर दिली आनी तातूंत मुखेल प्रस्नांचेर चर्चा जाली अशें व्हाइट हाउसान काल रातीं खबर दिल्या

जयशंकर 100

परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल नवी दिल्लींत जावपी रायसीना संवाद 2025 च्या निमतान क्यूबाचे उपप्रधानमंत्री डॉ. एडुआर्डो मार्टिनेझ डियाझ हांची भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत डॉ. जयशंकर हांणी सांगलें, खास करून भलायकी आनी पारंपारीक वैजकी मळार उदरगत सहकार्याचेर चर्चा केल्या. डॉ. जयशंकर हाणी जॉर्जियातले त्यांचे समपदस्थ माका बोटचोरिशविली आणि नॉर्वेचे एस्पेन बार्थ ईडे हांचीय भेट घेतली. नॉर्वेच्या परराश्ट्र मंत्र्या कडेन जाल्ले बसकेंत तांणी टीईपीएची अंमलबजावणी, नील अर्थवेवस्था, शिक्षणीक सहकार्य, युक्रेना संबंदीत घडामोडीं विशीं चर्चा केल्या अशें तांणी सांगलें. मजगतीं, जॉर्जियाच्या परराश्ट्र मंत्र्या वांगडा जाल्ले बसकेंत राजकी, वेपार, गुंतवणूक, पर्यटन, शिक्षणीक सहकार्य वाडोवपाच्यो संदीचो सोद घेतला अशें तांणी सांगलें

बॅडमिंटन 50

स्विस ओपन बॅडमिंटनांत आयज स्वित्झर्लंडांतल्या बाझेलांत जावपी बायलांच्या दोटटी सर्तीच्या उपांत्य पूर्व फेरयेत भारताची ट्रीसा जॉली आनी तिची जोडीदार गायत्री गोपीचंद हांचो खेळ सेलीन हब्श आनी अमेली लेहमन ह्या जर्मन जोडी आड जातलो . काल पयले फेरयेंत भारतीय जोडयेन स्वित्झर्लंडाची ॲलाइन म्युलर आनी नेदर्लंडसाची केली व्हॅन बुइटेन हांकां 21-16, 21-17 अशी हार घाली.

रिझर्व्ह 90

संवसारीक आव्हानां आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्था लवचीकपण दाखयता अशें रिझर्व्ह बँकेच्या मार्च 2025 वर्साच्या म्हयन्याळ्या बुलेटीनांत म्हणलां. बुलेटीनांतल्या "अर्थवेवस्थेची स्थिती" ह्या लेखांतल्यान कळटा की वाढते व्यापार तणाव आनी शुल्काच्या व्याप्ती, वेळ आणि तीव्रते भोवतणच्या अनिश्चिततेच्या वाढत्या लाटेक लागून जागतिक अर्थव्यवस्थेची परीक्षा जाता. पूण हीं आव्हानां आसून लेगीत भारतीय अर्थवेवस्थेंत सुदारणा जाल्या, हाचो पुरावो शेतकी क्षेत्राची घटमुट कामगिरी आनी वाडट्या वापरांतल्यान स्पष्ट जाता अशें लेखांत नोंद केलां. लेखां प्रमाण ह्या अन्नधान्यांच्या दरांत आनीक सुदारणा जाल्ल्यान फेब्रुवारी 2025 त हेडलाइन सीपीआय चलनवाढ ३.६ टक्क्यांपर्यंत घसरील्यान आव्हानांक तोंड दिवपाक भारताची व्यापक अर्थीक बळगें घट जाल्या

गेट्स 80

बिल अँड मेलिंडा गेट्स फावंडेशनाचे संस्थापक बिल गेट्स हांची काल नवी दिल्लींत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी भेट घेतली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, की फुडल्या पिळग्यां खातीर बरो फुडार तयार करपाचेर लक्ष केंद्रीत करून तंत्रगिन्यान, नवनिर्माण आनी टिकावूपण अशा वेगवेगळ्या प्रस्नांचेर आपूण आनी गेट्स हांणी चर्चा केल्या. भारताची उदरगत, 2047 त विकसीत भारताकडे वचपाचो मार्ग, आनी भलायकी, शेतकी, एआय, आनी हेर क्षेत्रांतल्या रोमांचक प्रगती विशीं तांणी प्रधानमंत्री मोदी कडेन खूब बरी चर्चा केल्या अशें गेट्स हाणी आपल्या सोशल मिडिया पोस्टांत शेअर केलां.

मुर्मु 100

पत्रकारितेचो आतमो आशिल्यो खबरो एकठांय करपाक बळगें दिवपाक जाय अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी सांगलें. नवी दिल्लींत पत्रकारितेंतल्या उत्कृश्टताये खातीर एकुणिसावो रामनाथ गोएंका पत्रकारिता उत्कृष्टता पुरस्कारांचे वितरण करताना राष्ट्रपतीन म्हणले की, या पुरस्कारांनी भारतीय पत्रकारितेंतल्या उत्कृश्टतायेचो दर्जो वाडोवपाचे प्रक्रियेंत योगदान दिला आनी ताका लागून आमच्या लोकशायेचीं मुळां समृध्द जाल्यात. घटना स्थळा वेल्यान अहवाल दिवपाची संस्कृताय वाडोवपा खातीर चड संसाधने समर्पित करपाची गरज आसा हाचेर ताणी भर दिलो. लोकशाये खातीर मुक्त आनी निष्पक्ष

पत्रकारितेचें म्हत्व कमी लेखूक मेळना अशें तिणें सांगलें. नागरिकांक बरी म्हायती दिवंक ना जाल्यार लोकशाय प्रक्रियांचो अर्थ वगडावता  अशें तांणी अधोरेखित केले. आधुनीक राज्यांत प्रसार माध्यमांचो म्हत्वाचो वांटो आशिल्ल्यान ताका चौथो  घटक म्हणटात अशें मुर्मु हाणी सांगलें

खेलो  इंडिया 350

खेलो  इंडिया पॅरा गेम्स (के आय पी जी) 2025 ची दुसरी आवृत्ती आयज नवी दिल्लींत सुरू जाता, तातूंत 36 राज्यांतले 1300 वयर खेळगडे एकठांय येतले. तळागाळांतल्या खेळांक उरबा दिवपा खातीर खेलो इंडिया उपक्रमाचो एक भाग आशिल्ली ही बहु-खेळ पेरा सर्त 27 मार्च मेरेन - जवाहरलाल नेहरू स्टेडियम, इंदिरा गांधी स्टेडियम आनी डॉ. करणी सिंग शूटिंग रेंज ह्या तीन सुवातींनी जातली

**खेळगडे पॅरा आर्चरी, पॅरा एथलेटिक्स, पॅरा बॅडमिंटन, पॅरा शूटिंग, पॅरा टेबल टेनिस आनी पॅरा पॉवरलिफ्टिंग ह्या स खेळांनी वांटो घेतले.

आयज सावन 22 मार्च मेरेन इंदिरा गांधी स्टेडियमांत पॅरा बॅडमिंटन, फाल्यां ते 23 मार्च मेरेन जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत पॅरा एथलेटिक्स हांचो आस्पाव आसा, डॉ. तातूंत करणीसिंह शूटिंग रेंजांत पॅरा शूटिंग, 22 ते 23 मार्च मेरेन जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत पारा आर्चर, 23 ते 26 मार्च जवाहरलाल नेहरू स्टेडियमांत पॅरा पॉवरलिफ्टिंग, 25 ते 27 मार्च इंदिरा गांधी स्टेडियमांत पॅरा टेबल टेनिस हांचो आस्पाव जाता. 2023 वर्साच्या  आदल्या आवृत्ती प्रमाण पॅरा फुटबॉल ह्या वर्साच्या कार्यावळीचो भाग जावचो ना.

प्रसार भारती स्पोर्ट्साच्या युट्युब चॅनलाचेर हे खेळ खेळो इंडिया पॅरा गेम्स (केआयपीजी) 2025 ची दुसरी आवृत्ती आयज नवी दिल्लींत सुरू जाता, प्रसार भारती स्पोर्ट्साच्या युट्युब चॅनलाचेर हे खेळ लायव्ह प्रसारीत जातले,

**20. 03.2025 @ 8.40**

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी **राजश्री** कामत तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता

**हयो आसात काय मुखेल खबरो**

**1 कमी खर्चाच्या भीम-यूपीआय वेव्हाराक चालना दिवपा खातीर सरकारान प्रोत्साहन येवजणेक मान्यताय दिल्या**

**2 देशांतल्या वट्ट वीज पुरवणेतल्यान 42 टक्क्यां परस चड हरित उर्जेचो वांटो आसा अशें केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलां.**

**3 अल्पसंख्यांक समाजा सयत सगळ्या समाजांची समाजीक-आर्थीक स्थिती सुदारपा खातीर सरकार यत्न करता अशें केंद्रीय अल्पसंख्यांक वेव्हार मंत्री किरेन रिजिजू हांणी सांगलां.**

**4 परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांणी काल नवी दिल्लींत जावपी रायसीना संवाद 2025 च्या निमतान क्यूबाचे उपप्रधानमंत्री डॉ. एडुआर्डो मार्टिनेझ डियाझ हांची भेट घेतली.**

**5 स्विस ओपन बॅडमिंटनांत आयज बायलांच्या दोटटी सर्तीच्या उपांत्य पूर्व फेरयेत भारताची ट्रीसा जॉली आनी तिची जोडीदार गायत्री गोपीचंद हांचो खेळ सेलीन हब्श आनी अमेली लेहमन ह्या जर्मन जोडी आड जातलो**

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो राष्ट्रीय खबरो तुमका आयकुंक मेळतल्यो **सांजेच्या** स वरा **30** मिनिटांचेर नमस्कार